**मुख्यमंत्र्याकडल्यान  गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं**

ता. 19 डिसेंबर  2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय मुक्ती दिसाच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी परबीं भेटयता. हो दीस गोंयच्या इतिहासातलो म्हत्वाचो दीस जावन आसा. ह्याच दिसा गोंय 450 वर्सांच्या पोर्तुगीजांच्या परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जाले. गोंयच्या मुक्ती खातीर आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांनी भरपूर त्रास भोगले, हुतात्म्यांनी आपल्या जीणेचो त्याग केलो. तांच्या त्यागाक लागून आयज आमी खुशालकायेची जीण जगतात. तांका आमी आयच्या ह्या प्रसंगार नमन करूया.

गोंय राज्यांन मुक्ती उपरांत आपल्या सामाजीक, सांस्कृतिक वारशाचे जतन करून सामाजीक आनी आर्थिक मळार भरीव प्रगती केल्या. राज्यांन शाश्वत विकासावांगडाच सैमाचे जतन करपाचेर भर दिला. आयच्या ह्या प्रसंगार आमी राज्यांच्या फुडल्या उदरगती खातीर  संकल्प करूया. तशेंच शांतीकाय आनी सलोख्याचो वारसो सांबाळून दवरपाक योगदान दिवया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/738

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji